राष्ट्रीय खबरो २७.११.२०२५ @ ८.४० AM

मुखेल खबरो

- संविधान दिसा निमतान काल राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आणि प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी संविधान निर्मात्यांक श्रद्धांजली ओपली
- संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग आज नवी दिल्लींत आपले इंडोनेशियाचे समपदस्थ सजाफ्री सजा/मसो/एद्दीन हांचे वांगडा तिसऱ्या भारत-इंडोनेशिया संरक्षण मंत्र्यांच्या संवादाचे सहअध्यक्षपण करतले
- 56व्या आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सवांत गोंयच्या तरणाटो चित्रपट निर्मातो सोहम भेंडे हाणें दिग्दर्शित केल्ल्या झीरो बल्बाक रेड कार्पेट पुरस्कार दिवन भोवमानित केलो
- काल अहमदाबादच्या ईकेए एरिना हांगा जाल्ले एएफसी अंडर-17 आशियाई कप 2026 क्वालिफायर गट डी मॅचींत भारतान चीनी ताइपेक 3-1 अशी हार घाली

AATA PURAY KHABRO

संविधान 120

संविधान दिसा निमतान काल प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी संविधान निर्मात्यांक श्रद्धांजली ओपली आनी तांची नदर आनी दूर/दृष्टी दरेका नागरिकाक विकसीत भारत निर्माण करपाच्या यत्नांक प्रेरणा दिता अशें सांगलें. संविधान, मानवी-प्रतिष्ठा, समानता आणि आनी स्वातंत्र्याक चड म्हत्व दिता , देशांत अधिकारां सयत सक्षम करतात, दरेकल्याक नागरिक म्हूण आपलीं कर्तव्यांची याद करून दिता आनी तीं कर्तव्यां पुराय करपाचो प्रत्येकान सदांच यत्न करचो अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदि हानी म्हणला. संविधान दिसा पॅरिसांतल्या युनेस्कोच्या मुखेल कार्यालयांत डॉ. बाबासाहेब आंबेडकराच्या अर्धपुतळ्याचे अनावरण झाल्याबद्दल प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हानी अभिमान उक्तायलो. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या

पोस्टांत प्रधानमंत्र्यान म्हणलें,कि  डॉ आंबेडकराचे विचार आनी आदर्श असंख्य लोकांक बळ आनी आशा दितात.संविधान दिसा निमित्त राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू यांनी नवी दिल्लीत संविधान सदनाच्या सेंट्रल हॉलत संविधानाच्या प्रस्ताव/नेचे वाचन केले. उपरांत उलयताना तानी म्हणले **BYTE**

राजनाथ  100

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग आज नवी दिल्लींत आपले इंडोनेशियाचे समपदस्थ सजाफ्री सजा/मसो/एद्दीन हांचे वांगडा तिसऱ्या भारत-इंडोनेशिया संरक्षण मंत्र्यांच्या संवादाचे सहअध्यक्षपण करतले. दोनूय मंत्री प्रादेशिक सुरक्षा घडामोडींचो नियाळ घेतले, बहुपक्षीय प्रस्नांचेर चर्चा करतले आनी द्विपक्षीय संरक्षण सहकार्याक आनीक घटमूट करपा खातीर नव्या वाठारांचो सोद घेतले अशें संरक्षण मंत्रालयान निवेदनांत म्हणलां. इंडोनेशियन मंत्री सव्वीस ते सत्तावीस नोव्हेंबर मेरेन दोन दिसांच्या भारताक भोंवडेर आसात. भारत-इंडोनेशिया संरक्षण संबंदांतल्या वाडट्या गतीचें प्रतिबिंब ही भेट दर्शयता आनी भागीदारी वाडोवपा खातीर सामायिक केल्ल्या वचनबद्धतेचो संकेत दिता अशें मंत्रालयान सांगलें. जानेवारींत इंडोनेशियन राष्ट्रपती भारताक आयील्ले  उपरांत कांय म्हयने जाले उपरांत हो संवाद जाला, जाका लागून दोनूय देशानी  संरक्षण संबंदांक दिल्लें धोरणात्मक म्हत्व आनीक घटमुट जाता.

पर्तगाल  70

श्रीसंस्थान गोकर्ण पर्तगाळ जीवनोत्तम मठाक 550 वर्सां पुराय जाल्या . हे फांटभुयेर 27 नोव्हेंबर ते   7 डीसेंबर ह्या काळात वेगवेगल्या धर्मिक,समाजीक आनी सांस्कृतीक कार्यावळीचे आयोजन केला. फाल्या अठावीस नोव्हंबराक अशिया खंडातलो सगळ्यात व्हड सतत्यात्तर फुटाचो भगवान रामाच्या पुतळ्याचे अनावरण जातले तशेच प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या हस्तुकी पर्तगाळ मठाच्या  पोस्टल स्टेम्पाचे अनावरण,तशेंच केंद्रीय वित्त खात्यावतीन पर्तगाळ मठाचे चित्र आशिल्ल्या खासा नाण्याचे अनावरण जातले अशी म्हायती मठाच्या केंद्रीय समीतीचे  अध्यक्ष आनी नामनेचे गोयचे उद्देजक श्रिनिविस धेंपो हांणी दील्या.**BYTE**

चॅटर्जी 70

भारत आनी संयुक्त अरब अमीरात हांणी 26 नोव्हेंबर 2025 दिसा आबू धाबींत कॉन्सुलर वेव्हार समितीची सवी बसका घेतली आनी हे0020दोनूय देशांची भागीदारी वाडोवपाचें आनीक एक म्हत्वाचें पावल आसा. भारतीय शिश्टमंडळाचें फुडारपण परराश्ट्र मंत्रालयांतले कॉन्सुलर, पासपोर्ट, व्हिसा आनी परदेशांतल्या भारतीय वेव्हाराचे सचिव अरुण कुमार चॅटर्जी हांणी केलें, जाल्यार युएईचें फुडारपण परराश्ट्र मंत्रालयाचे अंडरसेक्रेटरी ओमर ओबैद अल-हेसन अल-शम्सी हांणी केलें. दोनूय देशांतल्या अधिकाऱ्यां मदीं तंत्रीक पांवड्यावेल्या सविस्तर सल्लामसलती  उपरांत ही बसका जाली.

हयो खबरो तुमी आकाशवाणी पणजी केंद्रवेलयान आयकतात

आता मुखवेलयो खबरो

MRO 70

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी तेलंगणाच्या हैदराबाद शारांत सफ्रान aircraft  इंजिन services  इंडिया- SAESI सुविधेचे व्हर्च्युअल पधतीन उद्घाटन केले. भारत हो संवसारांतल्या देशांतर्गत विमान येरादारी बाजारपेठांपैकी एक. भारत गुंतवणूक आनी नवनिर्माणाक येवकार दिता आनी उत्पादन संबंदीत प्रोत्साहन-पीएलआय येवजण्यांनी संवसारीक कंपनींक भारताक आपलें गंतव्य/स्थान म्हूण वेंचून काडपाक आकर्शीत केलां अशें तांणी सांगलें. सफ्रानान स्थापन केल्ली ही नवी सुविधा भारताक जागतीक MRO केंद्र म्हूण स्थापन करपाक योगदान दितली अशें तांणी स्पश्ट केलें. **BYTE**

इफ्फी १००

शप्पनावया आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सवांत रेड कार्पेटाचेर प्रेक्षकांच्या नेटाच्या प्रतिसादान दोन गोंयच्या चित्रपटांनी सगळ्यांचे लक्ष ओढले . वैमानिक - द पायलट ह्या सिनेमाच्या भव्य प्रीमियरांत एकोणिशे साठात गोंयांत घडिल्ल्या दोन भावांची काळजाक भेद्पी काणी पळयली. दिग्दर्शक नीतीश पॅरिस हानी ह्या सिनेमाचें वर्णन गोंयांतल्यान संवसाराक बरयले एक उक्तें मोगाचें पत्र, जें अजूनय गोंयांकडे संबंधित अशील्ल्यो भावना प्रतिबिंबित करता अशे म्हणला. ह्या कार्यावळीक ह्या सिनेमाचे कलाकार आनी सृजनशील पंगड हाजीर आशिल्ले. मजगतीं, तरणाटो चित्रपट निर्मातो सोहम भेंडे हाणें दिग्दर्शित-केल्ल्या झीरो बल्बाक रेड कार्पेट पुरस्कार दिवन भोवमानित केलो. अर्थपूर्ण विशय आनी घटमूट कथाकथन सांगपी गोंयच्या चित्रपटांक सरकारी तेंको आनी व्यापक माची मेळोवन दितले अशें गोवा मनरिजवण सोसायटीची उपाध्यक्ष दिलायला लोबो हांणी सांगलें.

IMD 80

भारतीय हवामान खात्यान पंजाबात आयज थंड ल्हारांचो अदमास दिला. हरियाणा, चंडीगढ, दिल्ली आनी हिमाचल प्रदेशांतल्या कांय सुवातींनी धुकें पडटलें असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. मजगतीं, अंडमान आनी निकोबार जुंव्यांर गडगड आनी वादळी वारें सयत व्हड ते खूब व्हड प्रमाणात पावस पडपाची शक्यताय आसा. केरळ, माहे, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकल हांगाय अशीच परिस्थिती येवपाची शक्यताय आसा. दक्षिण केरळ दर्यादेग आनी लागसारच्या लक्षद्वीप वाठारांनी, बंगालच्या दक्षिण खाडी, तमिळनाडू दर्यादेग आनी अंडमान दर्याचेर वराक पंचावन kilometer वेगान वारे व्हाव्तले अशे हवामान खात्यान म्हणला.

स्पोर्ट्स 70

काल अहमदाबादच्या eka arena  हांगा जाल्ले afc सतरा वरसा सकयल्या आशियाई कप 2026 क्वालिफायर गट डी मॅचींत भारतान चीनी ताइपेक 3-1 अशी हार घाली.

आता खबरो सोपोवचे पयली परत एक फावट काय मुखेल खबरो

- संविधान दिसा निमतान काल राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आणि प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी संविधान निर्मात्यांक श्रद्धांजली ओपली
- संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग आज नवी दिल्लींत आपले इंडोनेशियाचे समपदस्थ सजाफ्री सजा/मसो/एद्दीन हांचे वांगडा तिसऱ्या भारत-इंडोनेशिया संरक्षण मंत्र्यांच्या संवादाचे सहअध्यक्षपण करतले
- 56व्या आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सवांत गोंयच्या तरणाटो चित्रपट निर्मातो सोहम  भेंडे हाणें दिग्दर्शित केल्ल्या झीरो बल्बाक रेड कार्पेट पुरस्कार दिवन भोवमानित केलो
- काल अहमदाबादच्या ईकेए एरिना हांगा जाल्ले एएफसी अंडर-17 आशियाई कप 2026 क्वालिफायर गट डी मॅचींत भारतान चीनी ताइपेक 3-1 अशी हार घाली

आणि इतल्यान हयो राष्ट्रीय खबरो सोपलयो. आकाशवाणी पणजी केंद्राचे मुखावेले राष्ट्रीय खबरपत्र तुमका aaykunk मेळतले सांजेच्या स वरा तीस मिणतानचेर नमस्कार